आकाशवाणी पणजी
राष्ट्रीय खबरा

30/04/2025 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र, केरळ आनी आंध्र प्रदेश भोंवडेर आसतले. फाल्या प्रधानमंत्री मुंबयंत जावपी वेव्हज म्हळयार संवसारीक ऑडिओ व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिषदेचे उक्तावण करतले. दुसऱ्या दिसा ते केरलात विझिंजम आंतरराष्ट्रीय दर्या बंदर राष्ट्राक समर्पित करतले. विकसीत भारताच्या दृश्टीकोनाचो एक भाग म्हूण भारताच्या दर्याक्षेत्रांत जावपी परिवर्तनकारी प्रगतीचें प्रतिनिधित्व करपी हें देशांतलें पयलें समर्पीत कंटेनर ट्रान्स-शिपमेंट बंदर. प्रधानमंत्री मोदीय ह्यावेळार सभेक संबोधीत करतले. उपरांत ते अमरावतींत 58 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून काय उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतले. देशात संवसारीक दर्ज्याची मुळावी बांदावळ आनी जोडणी सुनिश्चीत करपाच्या आपल्या वचनबद्धते प्रमाण प्रधानमंत्री आंध्र प्रदेशांत 7 राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. ह्या प्रकल्पांक लागून रस्त्याची सुरक्षीतताय आनीक वाडटली, रोजगाराची संद निर्माण जातली तशेंच तिरुपती, श्रीकालहस्ती, मलाकोंडा आणि उदयगिरी किल्लो यासारख्या धार्मिक आणि पर्यटन स्थळांक अखंड कनेक्टिव्हिटी मेळटली . जोडणी वाडोवप आनी क्षमता वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या राष्ट्रीय रेल्वे प्रकल्पां ते राष्ट्राक समर्पित करतले. ह्या प्रकल्पांक लागून, आंतरराज्य प्रवासांत सुदारणा जातली, गर्दी उणी जातली आनी जोडणी वाडटली.

फाल्यां मुंबयच्या जियो वर्ल्ड कन्व्हेंशन सेंटरांत वेव्हज म्हळयार संवसारीक ऑडिओ व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिषद जाता प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या शिखर परिषदेचें उक्तावण करतले. कनॅक्टिंग क्रिएटर्स, कनॅक्टिंग कंट्रीज ह्या टॅगलाइनी खाला ह्या शिखर सभेंत संवसारभरांतले निर्माते, स्टार्टअप उद्देग फुडारी आनी धोरणकर्ते एकठांय येवन भारताक माध्यम, मनरिजवण आनी डिजिटल नवनिर्मणेचे जागतीक केंद्र म्हूण स्थापन करपाखातीर वावउरतले . वेव्स शिखर परिषदेचो हेतू भारताक संवसारीक मनरिजवण अर्थवेवस्थेंत वर्स 2029 मेरेन 50 अब्ज डॉलराची बाजारपेठ उत्की करपाचो आसा. 4 दिसांच्या ह्या कार्यावळींतल्यान जागतीक माध्यम संवाद, खरेदीदार-विक्रेतो मेळप, उदयाक येवपी निर्मात्यां खातीर सत्रां आसतले. अमिताभ बच्चन, रजनीकांत, चिरंजीवी, मोहनलाल, नागार्जुन, शाहरुख खान, अनिल कपूर, अक्षय कुमार, आमिर खान सारकिले नामनेचे कलाकार ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.

केंद्र सरकारान फुडली जनगणना जातीनिहाय करपाचो निर्णय घेतला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या येजमानकेखाला आयज नवी दिल्लींत जाल्ले मंत्रीमंडळाचे राजकी वेव्हार समितीचे बसकेंत हो निर्णय घेतला. म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी बसके उपरांत पत्रकारांक ही म्हायती दिली. जाती निहाय लोकसं ख्या पारदर्शकपणान समजून घेवप आनी समाजांत एकवट स्थापन करप हो हाचो हेतू आसा अशें ताणी सांगलें.

ऊंसाखातीर ह्यावर्साच्या खरेदी हंगामात ३ हजार ५५० रुपया दर टन एफआरपी दिवपाचो निर्णय आयचे मंत्रीमंडळ बसकेंत घेतला. उत्पादन खर्चा परस हें मोल 105 टक्के चड आसा, जाचो फायदो 5 कोटी ऊंस शेतकारांक आनी साकर कारखान्यांत काम करपी 5 लाख कामगारांक मेळटलो अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

शिलांग ते सिलचर म्हामार्ग प्रकल्पाक हे बसकेंत मान्यताय मेळ्ळी. ह्या प्रकल्पाक २२ हजार ८६४ कोटी रुपया खर्च येतलो. 166 किलोमीटर लांबायेच्या ह्या मार्गाकलागून त्रिपुरा, मणिपूर, मिझोराम आनी आसामाच्या बराक देगणामदीं संपर्क सुदारतलो.

कायदो आणि न्याय मंत्रालयाच्या सहकार्याने भारताच्या महाधिवक्ता कार्यालयावरवी पुडल्या म्हयन्याच्या ३ तारखेक नवी दिल्लीत मध्यस्थ संघटनेची एक परिषद घडोवन हाडटा. हे परिशदेंत मध्यस्थ आनी मध्यस्थी संस्था एकठांय येवन मध्यस्थी प्रक्रिये संबंदीं उत्तम पद्दतीं विशीं भासभास करतले अशी माहिती महाधिवक्ता आर. वेंकटरमणी हाणी आज नवी दिल्लीत प्रसार माध्यमांक दिली.

सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवई हे भारताचे फुडले मुखेल न्यायाधीश आसतले.राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी न्यायमूर्ती गवई हाची भारताचो मुखेल न्यायाधीश म्हूण नेमणूक केल्या. फुडल्या म्हयन्याच्या 14 तारखे सावन ते ते आपलो पदभार स्वीकारतले अशी म्हायती केंद्रीय कायदो आणि न्यायमंत्री अर्जुन राम मेघवाल हाणी दिली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानाचेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांचे कडेन बसका घेतली. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत ही बसका जाली. उपरांत आरएसएसचे मुखेली मोहन भागवत हांणीय प्रधानमंत्री कडेन नवी दिल्लीतल्या तांच्या निवासस्थानी मेळ्ळे.

काल रातीं जम्मू-काश्मीरांत नियंत्रण रेशेचेर पाकिस्तानी सैन्यान केल्ल्या फरपेटाचो भारतीय सैन्यान प्रतिकार केलो . पाकिस्तानी सैन्यान नौशेरा, सुंदरबनी आणि अखनूर सेक्टरा मुखार आशिल्ल्या नियंत्रण रेशेचेर आशिल्ल्या भारतीय चौक्याचेर फरपेट केलो प्रत्सहगळबपचदघल तशेंच पाकिस्तानी सैन्यान बारामुल्ला आनी कुपवाडा जिल्ह्यांत केल्या फारपेटाक गळबपचदघल भारतीय सैन्यान फावो ती जाप दिल्या

भारत आनी अमेरिके मदीं आयात शुल्का विशीं जावपी उलोवणी बऱ्या तहरेन सुरू आसून बेगीनूच वेपारी कबलात येसस्वी जातली अशी आस्त अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी उक्तायल्या.. ह्या सप्तकाचे सुरवेक अमेरिके वांगड वेपारी करार करपी पयल्या देशांतलो भारत एक देश जावंक शकता अशी आस्त अमेरिकेचे वित्त मंत्री स्कॉट बेसंट हांणी उक्तायली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, केरळ, मेघालय, त्रिपुरा, आनी अस्तंत बंगालातल्या काय सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे 7:30 वरांचेर हैदराबादच्या Ma चिदंबरम मैदानार चेन्नई सुपर किंग्स आणि पंजाब किंग्स पगडा मजगती खेळ जातलो

नमस्कार